**राज्यपालांच्या अध्यक्षतेखाला भारतीय रेडक्रॉस संस्थेच्या गोंय शाखेची बसका जाली**

ता. 2 नोव्हेंबर 2023

गोंयचे राज्यपाल आनी भारतीय रेडक्रॉस संस्थेच्या गोंय शाखेचे अध्यक्ष श्री पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांचे अध्यक्षतेखाला आयज राजभवनार भारतीय रेडक्रॉस संस्थेच्या गोंय शाखेची वर्सुकीं बसका जाली.

बसकेत उलयतना राज्यपालांन रेडक्रॉस संस्थेच्या गोंय शाखे वतीन मानवतावादी भावनेतल्यान समाजातल्या गरजू लोकांच्या कल्याणाखातीर करपात येवपी वावराची तोखणाय करून समर्पित सेवे खातीर गोंय शाखेच्या वांगड्यांचे अभिनंदन केले.

बसकेत राज्यपाला हस्तुकीं भारतीय रेडक्रॉस संस्था गोंय शाखेच्या वर्स 2022-23 च्या वर्सुकीं अहवालाचे विमोचन जाले.

गोंय शाखेचे अध्यक्ष गौरीश धोंड हांणी येवकाराच्या उलोवपात संस्थेच्या कार्याची म्हायती दिली. संस्थेन गोंय वैजकीय म्हाविद्यालय आनी आझिलो हॉस्पिटलाच्या सहकार्यान राज्यांत रक्तदान शिबीरांचे आयोजन केले. संस्थेन नगरपालिका कामगांर आनी गरजू लोकांक नितळसाणीचे सामान वाटले, अशें तांणी सांगलें.

संस्थेन माधव, माधवी आनी महेंद्र धोंड ट्रस्टाच्या सहकार्यान आत्मविश्वास विशेश शाळेक एक मारूती इको व्हॅन भेटयली. तशेंच प्रधानमंत्री क्षयरोग निर्मुलन अभियानाखाला अकरा मुळाव्या भलायकी केंद्रांक पुश्टीक आदार सामानाचे किट भेटयली, अशीय म्हायती तांणे दिली.

गोंय शाखेचे उपाध्यक्ष मांगिरीश पै रायकर हांणी फाटल्या बसकेचो नियाळ वाचलो.

श्री. मारियो पिंटो हांणी वर्सुकीं अर्थसंकल्प सादर केलो.

संस्थेचे वांगडी डॉ. लेनी डिकॉस्ता हांणी बसकेक उपस्थित आशिल्ल्या सगळ्यांचे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/860

--
-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity, Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.